राष्ट्रीय खबरो २४.10.२०२५ @ 8.40 PM

मुखेल खबरो

- रोजगर मेला उपक्रमांअंतर्गत आयज सकाळीं व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी नव्यान भरती जाल्ल्या ekavn हजारां परस चड तरणाट्यांक  नेमणूक पत्रां वांटतले.
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  म्हणला की, देश वेगान विकास करता आणि बिहार या प्रवासात खांद्याक खांदो लावन वाटचाल करता
- वेंचणूक आयोगान मुखेल वेंचणूक अधिकारी आनी मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यांक आपापल्या राज्यांत आनी संघराज्यांत खाशेल्या सघन सुदारणां खातीर, तयारी निमाणी करपाक निर्देश दिल्यात.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी नवी दिल्लींत संरक्षण खरेदी नियमावली (डीपीएम) 2025 जाहीर केलो.

MURMU 110

विकसित भारताचे स्वप्न साध्य करपाक समाजातल्या प्रत्येक घटका खातीर विशेषतः दुर्बल आणि उपेक्षित घटकांक समान संधी आवश्यक आसात हाचेर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी भर दिला. kal केरळात राजभवनार के.आर. नारायणन यांच्या अर्धपुतळ्याचे अनावरण केल्या उपरांत उलयतांना ताणी आदले राष्ट्रपती के.आर. नारायणन यांनी दिल्या योगदानार उजवाड घालो राष्ट्रपतीनी म्हणाले की त्यांनी सचोटी, करुणा आणि उच्च लोकशाही भावनेचे दायज दिले आनी राष्ट्र उभारणी आणि अधिक समावेशक देश घडोवपाक आपले जीवन समर्पित केले. के.आर. नारायणन हांचो दृढ विश्वास आसलो की शिक्षण हेच सभ्यतेची बुन्याद आणि खंयच्याय समाजाच्या विकासाक ते गरजेचे आसा. राज्यपाल राजेंद्र विश्वनाथ आर्लेकर, माजी राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद आणि बिहारचे राज्यपाल आरिफ मुहम्मद खान यावेळी उपस्थित अशिल्ले.केरळच्या राज्यपालांनी राष्ट्रपती मुर्मू आणि माजी राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हांचो सत्कार केलो **BYTE visit bharat**

Rojgaar 90

रोजगार मेला उपक्रमांअंतर्गत  आयज सकाळीं व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी आनी संघटनांनी नव्यान भरती जाल्ल्या ekavn हजारां परस चड तरणाट्यांक  नेमणूक पत्रां वांटतले.

तशेंच ह्या कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री नव्यान  नेमिल्ल्या तारनाट्याक संबोधित करतले.  ह्या सतराव्या रोजगार  मेलाक केंद्रीय मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग आनी रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग राज्यमंत्री अजय तामता हाजीर असतले . रोजगार निर्मितीक सगळ्यांत चड प्राधान्य दिवपाची प्रधानमंत्र्याची वचनबद्धताय पुराय करपा खातीर रोजगार मेला हें त्या दिकेंन एक  पावल आसा . तरणाट्यांक तांच्या सशक्तीकरणा खातीर आनी राष्ट्र निर्मितींत वांटो घेवपा खातीर अर्थपूर्ण संद दिवपाक ताची म्हत्वाची भुमिका आसतली.

Pm mera booth 80

प्रधानमंत्री आणि भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी हाणी  म्हणला की, देश वेगान विकास करता आणि बिहार या प्रवासात खांद्याक खांदो लावन वाटचाल करता. काल 'मेरा बूथ सबसे मजबूत' कार्यक्रमांतर्गत भाजप-एनडीएच्या कार्यकर्त्यां कडे व्हर्च्युअल संवाद साधताना मोदी हाणी  म्हणले की, केंद्र आणि बिहारात स्थिर सरकार आशिल्यान देशात आणि बिहारात विकास कामां सुरू आसात. जेन्ना स्थिरता आसता तेन्ना विकासाक गती मेळता.ताणी असो विश्वास व्यक्त केला की, बिहार, राज्यात परत एनडीए सरकार हाडटले. मतदारांच्या एकामताच्या बळार राम मंदिर बांधले, ऑपरेशन सिंदूर राबयले आणि देश नक्षलवादापासून मुक्तीकडे वेगान मुखार वता.

EC 60

वेंचणूक आयोगान मुखेल वेंचणूक अधिकारी  आनी मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यांक आपापल्या राज्यांत आनी संघराज्यांत खाशेल्या सघन सुदारणां खातीर तयारी निमाणी करपाक निर्देश दिल्यात. वेंचणूक आयोगाच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांची दोन दिसांची परिशद आयज नवी दिल्लींत सोंपली. हे परिशदेचे अध्यक्षपद मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी वेंचणूक आयुक्त डॉ सुखबीर सिंग संधू आनी डॉ विवेक जोशी हांच्या हाजिरेंत केलें.

हयो खबरो तुमी akashvani पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

Khattr  70

केंद्रीय ऊर्जा मंत्री मनोहर लाल खट्टर हाणी  सांगले की, देशभरात १०० दशलक्ष स्मार्ट वीज मीटर बसोवपाचे उद्दिष्ट आसा आनी  त्यापैकी १ कोटी आदीच बसयल्यात. ते हरियाणातल्या रोहतक शारात माध्यमांकडे संवाद साधताले. स्मार्ट मीटर बसयल्यान ग्राहकांच्यो कागाळी पयस जातल्यो अशे त्यांनी सांगले. ग्राहकांक तांचो वीज वापर नियंत्रित करपाक आणि वीज वाचोवंक मेळटली. मेट्रो-बद्दलच्या प्रश्नाक जाप दिताना ताणी म्हणाले की, देशात आता मेरेन १,१०० किलोमीटर मेट्रो रेल्वे लाईन्स बांधतले. मेट्रो रेल्वेच्या बाबतीत भारत जगात तिसऱ्या क्रमांकार आसा आणि रोखडेच दुसऱ्या क्रमांकार पावतलो

BIHAR  50

बिहार विधानसभा वेचणुकीच्या पहिल्या टप्प्यातल्या प्रचाराक वेग आयला . मुख्यमंत्री नितीश कुमार यांनी सारण जिल्ह्यात वेचणूक रॅलीत  उलोवप केले.

महाआघाडीचे उमेदवार आणि फुडारी वेगवेगळ्या मतदारसंघांनी सक्रियपणान प्रचार करतात.बिहारात आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सयत खुपशे फुडारी वेचणुक प्रचाराक येतले ते विशी उलयताना मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी सांगले की **BYTE bihar elections**

राजनाथ 100

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी नवी दिल्लींत संरक्षण खरेदी नियमावली (डीपीएम) 2025 जाहीर केलो. फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन नवो डीपीएम लागू जातलो, जाका लागून संरक्षण मंत्रालयाच्या खाला आशिल्ल्या तिनूय सेवा आनी हेर आस्थापनांतल्यान सुमार एक लाख कोटी रुपयांची येणावळ खरेदी वाडटली. नियमांत सुदारणा करपाखातीर आपल्या मंत्रालयान आनी मुख्यालयांतल्या एकत्रीत संरक्षण कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या यत्नांची तोखणाय करतना, नव्या नेमांक लागून प्रक्रिया सोपी जातली, कामांत एकसारकेंपण येतले  आनी सशस्त्र दळाक कार्यकारी तयारी खातीर गरजेचे माल आनी सेवा दिवपाक मदत जातली असो विस्वास सिंग हाणी उक्तायलो. तशेंच खरेदींत नितीमत्ता, पारदर्शकता आनी जापसालदारकी सुनिश्चीत करून संरक्षण उत्पादन आनी तंत्रगिन्यानाच्या मळार MSME आनी स्टार्टअपांक चड संद मेळटली अशें तांणी सांगलें.

MKB 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या महिन्याच्या सव्वीस तारखेक आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात देश-विदेशातल्या लोकांकडेन संवाद सादतले. हो तांच्या म्हयन्याळी कार्यावळीचो एकशेसत्तावीसावो  वाटो आसतलो . लोक तांचे विचार आनी सूचोवणो १८००-११-७८०० या toll free  क्रमांका/वरवी सादर करूंक शकतात.

रेल्वे 70

प्रवाशांच्या सोयी खातीर, केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव यांनी नवी दिल्लीत रेल भवन हांगा वॉर रूमातल्यान ह्या उत्सवाच्या काळात धावपी विशेष गाड्यांच्या स्थितीचो आढावो घेतलो. त्यांनी काल अधिकाऱ्यांकडे संवाद साधलो आणि छठपूजेच्या पयली रेल्वेच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. रेल्वे स्थानकांर उत्सवाच्या गर्दीचे निरीक्षण आणि व्यवस्थापन करपाक वॉर रूमची स्थापना केल्या. वैष्णव हांणी म्हणाले की, देशभरात तीन स्तरांचे वॉर रूम आसात, एक डिव्हिजन स्तरार, एक झोनल स्तरार आणि एक रेल्वे बोर्ड स्तरार.

स्पोर्ट्स 70

आयसीसी बायलाच्या  एकदिसाच्या क्रिकेट विश्वचषकात काल राती नवी मुंबईतल्या डीवाय पाटील स्टेडियमार न्यूझीलंडाचो त्रेपपन  धावड्यांनी पराभव करून भारतान उपांत्य फेरयेत प्रवेश केला. पयली फलंदाजी करताना, भारतीय सलामीवीर प्रतीका रावल आणि स्मृती मानधना हांणी शानदार शतका ठोकत भारताक पावसान प्रभावित जाल्या खेळात

एकुणपन्नास  षटकांत ३ बाद ३४० धावडयो केल्यो . मानधना हिणे  एकशेणव धावड्यो  तर रावल हाणे १२२ धावड्यो काडल्यो, न्यूझीलंडान चवेचाळीस  षटकांत ८ बाद दोनशेएक्यात्तर  धावड्यो केल्यो.

Weather 70

कर्नाटक दर्यादेग , केरळ, माहे, अंडमान आनी निकोबार जुवे हांगा आयज व्हड ते खूब दडकानी पावस पडपाची शिटकावणी भारतीय हवामान खात्यान दिल्या तशेच हवामान खात्यान हया भागांखातीर orange अलर्ट जारी केला . फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी तेलंगना हांगा कांय वाठारांनी मध्यम ते व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत ओडिशा आनी कर्नाटकात काय सुवतिनि गडगड, वीज आनी वादळी वाऱ्याची परिसतिथी आसपाचो अदमास हवामान खात्यान अदमास कादला

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- रोजगर मेला उपक्रमांअंतर्गत आयज सकाळीं व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी नव्यान भरती जाल्ल्या ekavn हजारां परस चड तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां वांटतले.
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की, देश वेगान विकास करता आणि बिहार या प्रवासात खांद्याक खांदो लावन वाटचाल करता
- वेंचणूक आयोगान मुखेल वेंचणूक अधिकारी, मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यांक आपापल्या राज्यांत आनी संघराज्यांत खाशेल्या सघन सुदारणां खातीर तयारी निमाणी करपाक निर्देश दिल्यात.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी नवी दिल्लींत संरक्षण खरेदी नियमावली (डीपीएम) 2025 जाहीर केलो.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय khabrapatr तुमका aykunk मळतले सांजेच्या स् वरा तीस मिंटनचेर नमस्कार